काजू पावणेंत वाटो घेवपाक नोंदणी/पावणी अर्ज सादर करपाची सुचोवणी

ता. 13 ऑक्टोबर 2026

गोंय रानां विकास म्हामंडळान गोंय राज्यांतल्या म्हामंडळाच्या क्षेत्राखालच्या विविध काजू लागवडीतल्यान 2026-27 वर्साच्या मोसमात काजू बियों आनी म्हुट्टें एकटाय करपाच्या पावणेंत वाटो घेवपा खातीर वैयक्तिक आनी आप मजत पंगडांनी नोंदणी निविदा अर्ज सादर करपाची सुचोवणी केल्या.

काजू पावणेंत वाटो घेवपाचे नोंदणी/निविदा अर्ज 15 ते 31 ऑक्टोबर2026 मेरेन संबंदीत रेंज कार्यालयांनी उपलब्ध आसतले. पाकिट बंद अर्ज संबंदीत रेंज कार्यालयांनी दवरिल्ल्या बॉक्सात घालपाक जाय.

प्रत्येक रेंजीचे नोंदणी/निविदा अर्ज सकाळी 11.00 वराचेर फुडल्या तारखां प्रमाण उगडपात येतले. काणकोण रेंज- 4 नोव्हेंबर रेंज ऑफिस, शेळेर काणकोण (आरएफओ मोहनदास नाईक, मो. नं. 9823987100, केपे रेंज- 6 नोव्हेंबर रेंज ऑफिस, फॉरेस्ट कॉलनी, केपे (आरएफओ बिपीन फळदेसाय, मो. नं. 9158927106), फोंडा रेंज- 13 नोव्हेंबर रेंज ऑफिस, फॉरेस्ट कॉलनी, फोंडा (आरएफओ प्रणय नाईक, मो. नं. 7798986166) आनी मोर्ले रेंज-18 नोव्हेंबर रेंज ऑफिस, गिमईवाडो, मोर्ले (आरएफओ प्रज्योत नाईक, मो. नं. 7798986079).

पावणेचे नेम आनी अदीक म्हायती खातीर म्हामंडळाच्या https:/goafdc.goa.gov.in ह्या वेबसायटीचेर भेट दिवची.

म्हा /सप/ / विगां/ 2026/670

--

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,
Government of Goa,
Udyog Bhavan, Third Floor,
Near Azad Maidan,
Panaji – Goa.